## राज्यपालांकडल्यान नातलांची परबीं

ता. 23 डिसेंबर 2017
2 पौष 1939

गोंयची राज्यपाल डॉ.(श्रीमती)मृदुला सिन्हा हांणी गोंयच्या लोकांक नातलां परबेची काळजासावन परबीं आनी शुभकामना भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, नातलांच्या परबेक आमी जेजू ख्रिस्ताच्या जल्माची खुशालकाय मनयतात. आमचे पातक आनी दुख्खामदी आमचे वांगडा येवन आमकां मुक्ती दिता त्या ईश्वरी पूताची ही काणी. जेजू ख्रिस्तान संवसाराक मोगाची शिकवण दिली. तांणी आमकां आमी सगळें एकाच मूळाचे आनी खंय तरी आमी एकामेकाकडेन संबंदीत आसात ही शिकवण दिली. तांणी त्याग आनी मानवतेची देख घालून दिल्या आनी आमकां शांतीकाय, सोशिकपण, दया, प्रेम आनी भावपणाचो ईश्वरी संदेश दिला.

जे तरेन ईश्वरान आपलो पूत धाडिल्लेखातीर आमी तांचे उपकार मानता, तेच तरेन जे दुख्ख भोगतात तांचे खातीर आमी प्रार्थना करूया. तशेंच जेजू ख्रिस्ताच्या जैत प्राप्तीखातीर आमी ईश्वराचेय आभार मानूया. नातलांची परब म्हळयार उजवाड आनी ईश्वराच्या प्रेमाचे प्रतिक. नातलांची परब आमी जात-पात आनी धर्म भेदभाव करीनासतना एकवटान आनी उमेदीन एक कुटुंब म्हुण मनोवया. नातलांची परब मनयताना ईश्वरी अस्तित्व आनी शिकवणीतल्यान आमकां उमेद, आस्त आनी सूख मेळटले, अशी हांव प्रार्थना करता, अशें राज्यपाल आपल्या संदेशात फुडें म्हणटा.

## मुख्यमंत्र्यांकडल्यान नातलांची परबीं

ता. 23 डिसेंबर 2017
2 पौष 1939

मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांणी गोंयच्या लोकांक नातलांच्या शुभप्रसंगार हुनहुनीत परबीं भेटयल्या.

नातलांची परब सगळयांच्या जीणेत खुशालकाय घेवन येव आनी समाजामदी प्रेम आनी भावपण वाडिक लागू. हांव सगळयांक नातलां आनी नव्या वर्साचीं परबीं दिता.